# 7. यशोदी सुंदरी

यशोदी सुंदरी कृष्ण लूटी भारी ।
करतगो मुरारी सांग ताका ।।
अशी म्हणु गोप्यो सांगता यशोदेक ।
व्रत करी एक बुद्धि चांगी ।।
वायट ते गुण वत्तले तेजान ।
करी तूं पूजन गणेशाचे ।।
मेगेल्या चेरडाक बुद्धिविनायक ।
चांग मोदक ते दीन तुक्का ।।
आयकूनी वचन हांसता श्रीकृष्णु ।
कारुण्य निश्चयान लूटी कांहीं ।।
धन्य धन्य म्होणु कोरनु उपवासु ।
पूंजीतो बिघनेसु यशोदम्मा ।।
शरकरेचो लाडू वीस आनी एकु ।
केले ते मोदक नैवेद्याक ।।
दवल्याचि हाडून निमगिता श्रीकृष्णु ।
केद्दान दिशी लाडू हाथु भोर्नु ।।
यशोदी सांगता ताका पुज्जा जावो पुत्ता ।
दीन तुक्का लाडू हाथु भोर्नु ।।
अशी म्होणु ताका ती गेलि भाहेर ।
अिगाळो हाडूक नैवेद्याक ।।

लाडूवाचे लागीं अशिलो श्रीकृष्णु ।
ताणे खेले लाडू सर्वेय घेवनु ॥
मोदकु तो गिळ्ळो घस्सा एकु पडलो ।
त्या वेळां यशोदी पावली थयि ॥
निवेद्याचो लाढू न्हयीं कांयीं थयि ।
कृष्ण सांगता अम्मा म्हजें आयक ॥
भायर तूं गेलो हजार हुन्दीर ।
आयले हांगा थोर सत्य सत्य ॥
तांतु एक व्होडु हुंदिरू आसिलो ।
ताजे फाटी बसलो भयंकरू ॥
अंगाक सिन्दूरु लायलो भयंकरु ।
पाशांकुशधरु कोणु गे तो ॥
हस्तीची सोंडाळ लोळता वैरि खाल ।
मारलीगे किंकाटी भीव्नु हांवें ॥
भीवनु ताळो सुकलो तान्ने दीगे म्हाका ।
धोर्नु हाडी ताका लाडू चोरले ॥
गणपतिचो लाडू घेवनु गेलो चोरू ।
हांव गुणकारू जालो देवा ॥
ऐकुनि वचन यशोधा कोपान ।
सांगता जनार्जन चोरू तूंची ॥
कृष्णु सांगता तिका हांव बहुसानु ।
सर्वेय तोंडाने हांव कशी गिळू ॥

यशोधी सांगता ताका माका दाकयिरे तोड ।
मारिले थापट यशोधेन ॥
कृष्णु सांगता तिका मारू नका माका ।
हांव तोंड तुका दाकयिन ॥
असी म्होणु तिका दाखयिलें तोंड ।
पळयिलें ब्रह्मांड यशोदेन ॥
बहु गणपति आसयिची तांतु ।
तिका ते सांगताचि कृष्णु विष्णु ॥
घेवुनी अवतारु काडतलो भू भारू ।
रमारमणा धीरू पूजी ताका ॥